# <u>नागरी सेवा एथलेटिक खेळां पंगड  निवड चाचणी</u>

ता. 20 नोव्हेंबर 2025

अखिल भारत नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळां मंडळावतीन बिहार सचिवालय खेळा फांवडेशन, बिहार हांच्या जोड पालवान पाटलीपुत्र खेळा प्रकल्प, कांकराबाग, पाटणा हांगा 13 ते 15 डिसेंबर 2025 मेरेन अखिल भारत नागरी सेवा एथलेटिक सर्तींचे आयोजन करपात येतले.

ह्या खेळां सर्तींत गोंय राज्याचे प्रतिनिधीत्व करपाक गोंय राज्य नागरी सेवा एथलेटीक पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार खात्यान ता. 22 नोव्हेंबर 2025 दिसा सांजेच्या 2.00 वरांचेर पेडे खेळा प्रकल्प, म्हापशें हांगा निवड चाचणी आयोजीत केल्या.

सरकारी खात्यांचे नियमीत कर्मचारी आशिल्ल्या इत्सुक खेळगड्यांनी खात्याच्या मुखेल्यान सय केल्ले वळखपत्र आनी खेळपाच्या सामानासयत निवड चाचणेच्या थळार श्री. प्रकाश सतरकर- 9823269088 (येवजण मुखेली) आनी शशि कुमार- 98903612261 (एथलेटिक प्रशिक्षक) हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/895

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.